# भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी



# बरे राजा, वायट राजा

बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Lazarus
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Ruth Klassen

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2024 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.

मनासेक तो एक दुख्खाचो दीस आशिल्लो. ताचो बापूय राजा हिजकीया मेल्लो. आतां फकत बारा वर्सांचो मनासे जुदांतल्या देवाच्या लोकांचेर नवो राजा जालो. तेन्ना ताका तें खबर नाशिल्लें, पूण मनासे ५५ वर्सां राजा आसलो. मनासेक बरो राजा जावंक देवाचो आदार जाय आशिल्लो.



पूण मनासेन देवा कडेन दुर्लक्ष करून वायट केलें. मनासेन मूर्ती पुजे खातीर वेदी परतून बांदल्यो. ताणें एक कोरांतिल्ली प्रतिमा लेगीत तयार करून ती देवाच्या पवित्र देवळांत दवरली! देवान मोयजेसा वरवीं सांगिल्लें, “तुमी खंयचीच कोरांतिल्ली प्रतिमा तयार करूं नाकात. तांकां नमस्कार करचो न्हय आनी तांची सेवा करची न्हय.”



मनासेन जादूटोणो केलो. ताणें लोकांक देवा पासून पयस व्हेले. राजान आपल्या पुतांक लेगीत मुर्तींक बळी दिवन लासले. मनासेच्या आदन्याभंगाक लागून देवाक खूब राग आयलो.



जेन्ना ताचे लोक आदन्या मोडटात तेन्ना देव तांकां ख्यास्त दिवपाक परवानगी दिता. मानासेक आनी ताणें राज्य केल्ल्या लोकांक अशेंच जालें. सर्वेस्परान असिरियन सैन्य तांचेर हाडलें. मनासेक साखळी घालून बाबिलोनाक व्हेलो.





बाबिलोनांत कश्ट सोंसून मनासेन आपल्या देवा कडेन विनवणी केली. तो आपल्या बापायच्च्या देवा मुखार खूब नम्र जालो आनी मागणी केली. आतां मेल्ल्या मूर्तींक मागणें करप ना! पूण, जिवो देव मनासेक ताच्या सगळ्या वायटपणा उपरांत जाप दितलो?

हय! देवान राजाची मागणी आयकली आनी ताका परत जेरुसलेमांत हाडलो, परत सिंहासनाचेर, परतून लोकांचेर राजा जावपाक. तेन्ना मनासेक कळ्ळें की सर्वेस्पर देव आसा.



राजा मानासे हो नवो मनीस आशिल्लो. ताणें ती प्रतिमा देवाच्या देवळांतल्यान काडली आनी जेरुसलेमांतल्या सगळ्या परकी देवांक एकठांय केले. ताणें तीं सगळीं उडयलीं. ताणें सर्वेस्पराची वेदी परतून तयार केली आनी उपकाराची अर्पण केली. मागीर ताणें आपल्या लोकांक इज्रायलाच्या देवा सर्वेस्पराची सेवा करपाची आदन्या दिली. मनासेनत कसलो बदल जालो!



मानासे मेलो तेन्ना ताचोच पूत आमोन परतून
मूर्तिपूजेक आयलो. पूण तो मानासे सारको प्रभू
मुखार नम्र जालो ना. आमोन चडांत चड पातक
करतालो, निमाणे ताच्या नोकरांनी ताचो खून केलो,
ताच्याच घरांत. ताणें फकत दोन वर्सां राज्य केलें.



फुडलो राजा जोसिया फकत आठ
वर्सांचो आशिल्लो. ताणें ३१ वर्सां
राज्य केलें आनी देवा मुखार जें
बरें तें केलें. ताणें सगळ्यो खोट्यो
उपासना आनी सगळ्या खोट्या
देवांचो नाश केलो. खरें म्हणल्यार
जोसियान सगळ्यो मूर्ती दळून
पिठो केलो.



बरो राजा जोसियान देवाचें देवूळ निवळ करून ते सारके केले. कोयराच्या मधें एका याजकाक मोयजेसान दिल्लें सर्वेस्पराच्या कायद्याचें पुस्तक मेळ्ळें.





कायद्याचीं उतरां
आयकून राजान दुख्खान
कपडे फाडले. देवाच्या
कायद्याक पाळो दिवंक
ताचे पूर्वज कितले
भिरांकूळ वायट
जाल्यात तें जोसियाक
खबर आशिल्लें.

हुल्दा नांवाच्या एका संदेष्ट्यान जोसियाक देवाचो संदेश दिलो. “प्रभु अशें म्हणटा, ‘पळयात, तांणी म्हाका सोडून दिल्ल्यान पुस्तकांतले सगळे शाप हांव ह्या जाग्यार हाडटलो.’” पूण जोसियास नम्र आनी आदन्याधारक आशिल्ल्यान, तो मेल्या उपरांत अशें घडटलें.



देवान जोसियाक आपल्या लोकांक परत सर्वेस्परा कडेन व्हरपाक आदार केलो. एक दीस झुजांत आपल्या सैन्याक फुडाकार दितना जोसियाक दुस्मानाच्या धनुर्धरान खूब जखमी केलो. ताच्या नोकरांनी ताका रथांतल्यान जेरुसलेमांत घरा व्हेलो आनी थंय ताका मरण आयलें. ताचे सगळे लोकानी शोक केलो आनी बऱ्या राजा जोसिया विशीं गितां तयार केली.





रोखडेंच राज्य सोंपलें. पूण
केन्ना तरी इज्रायलाचेर
परतून राजा राज्य करतलो.
ताचें नांव राजांचो राजा
आनी प्रभुचो प्रभु. जेजू
क्रिस्त पयलेच खेपे आयलो
तेन्ना ताका न्हयकार दिलो
आनी ताका खुर्सार मारलो.
जेजू क्रिस्त परत येतलो
तेन्ना तो फकत इज्रायलाचेर
न्हय, पूण पुराय पृथ्वीचेर
राजा जातलो.

# बरे राजा, वायट राजा

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

२ इतिहास ३३-३६

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

# शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! जुांव 3:16